

# अंतरनाद

- उर्जिता भोबे

आशावादी प्रकाशन

यदाहं जीवमि, अहमाशंसे

# अंतरनाद

## कविता

## – उर्जिता भोबे

**Antarnad** - *A collection of Konkani poems written by **Urjitha Bhobe**, transliterated & edited by **Valley Quadros** and published by Ashawadi Prakashan.*

(C) ASHAWADI PRAKASHAN

First Edition : 2022 (Digital)

Cover : Ashawadi

Layout : Enigma Creations

Pages : 50 + 2

For communication **Email**: ashawadi@gmail.com

**WhatsApp**: 7021967880

# अंतरनादाची गाज

जनेर २०१८, अखील भारतीय कोंकणी परिशद

मुंबंयत चल्ली, आनी कविगोश्टिचें अध्यक्षपणाचें सुंकाण म्हजेर दिलें म्हणतच हांव ह्या कविगोश्टिंत सादर केल्ल्या कवितेंक आयकुंक सगळें आगच कान करून आसलों. कोच्ची, कारवार, मंगळूर, गोंय आनी मुंबय अशें वेग-वेगळ्या बोलिंच्यो कविता आयकुंची मजाच वेगळी. त्या कविगोश्टिंत कविता सादर करुंक आयिल्ली एकली बाय उर्जिता भोबे. दायज.कोमचें संपादकपण चलयताना गोंयच्यो सभार कविता हांवें वाचल्यात आनी पर्गट केल्यात. पयणारी.कोमचें संपादन करून आस्ताना सयत गोंयच्यो कविता वाचल्यात पूण आज पासून बाय उर्जिताचें नांव सयत नेणा जाल्ल्या म्हज्या समजणेच्या दुबळिकायेचेर शीण आयली. बाय उर्जिताची कविता आयकून फकत एक सवाल म्हज्या मतिंत उदेल्लें 'येदोळ पासून हांवें किद्याक हिची कविता वाचुंक ना?', कविगोश्टी संप्तच हांव तिका मेळून हें प्रश्न केलें आनी तिची जाप भोव सादी जावनासली; कांय पन्नासांक मिकवोन कविता बरयल्यात पूण जोक्तो आवकास मेळुंक ना. आनी २०२१ वर्साच्या अखरेंत बाय उर्जिताचें नांव अख्ख्या कोंकणांत व्हळकिचें जालां. तिच्यो कविता मुंबंयत, मंगळुरांत सादर जाल्यात. मयन्याची कविता इआम, तशेंच राश्ट्रीय म ाच्या साहितीक सर्तेंत सयत इनामां जोडुंक पावल्यांत म्हणतकूच तिच्या कवितेच्या सक्तेची वळक परत कर्ची गर्ज ना पूण तिका पयलो आवकास करून दिल्ल्या बाय सुफला गायतोंडेक खरेपणीं वाखणणी करुंक जाय.

पयणारी.कोमचेर बाय उर्जिताच्यो एकापरास एक अपुर्भायेच्यो कविता पर्गट जाल्यात आनी ह्यो कविता हांवें एक कवितारसीक जावन वाचल्यात आनी खायस केल्यात. आनी आज डिजिटल बुकारुपार ह्यो कविता एका ई-पुस्तकारुपार तुज्ये मुकार पावलां तर ही फकत एक सुर्वात मात्र म्हणून सांगचें धयर घेतां. बाय उर्जिता एक संवेदनशीळ कवी, आयचो काळ डिजिटल काळ, सोशियल मीडियाचो काळ. कोणालागिंय वेळ ना, देकून सगळें वेगीं जाय, आनी मटवें आसुंक जाय; जांव ती कविता, वा कथा, वा कादंबरी. इतलेंच न्हय, कोणालागिंय सयरण ना, बरयिल्लें वेगिंच प्रकाशीत जावपाक जाय, नां तर बरयिल्ल्यो च्यार वळी सयत सोशियल मीडियांत पोसट कर्तात आनी 'लैक, सबस्क्रायब एंड शेर' म्हणून वाटसाप ग्रूपांत शेर कर्तात. आनी तसल्या कवितेंक शेंभोरानी लैक मेळताना ते जाले 'स्व-घोशीत कवी महाराज'. विचित्र म्हळ्यार असल्यांक सन्मान-पुरसकारयी मेळतात. हेच कारणाक लागून आज कोंकणिंत वाचप्याकी चड मापान कवी भरल्यात. पूण स्व-घोशीत कावी जाल्ल्या चडतावां थंय 'कवी'च ना. कवी म्हळ्यार बरयतलो मात्र? हें प्रश्न 'हांव कवी' म्हण चिंतेल्या, पात्येतेल्यांनी अपणाक कर्चे. पूण ताच्यादीं पयलें अपणाथंय 'अंतरमन' म्हळें आसाकाय म्हळें प्रश्न पयलें कर्चे.

कोंकणिंत अस्तुरी साहित्य आसा, गोंयांत सयत भोव संवेदनशीळ अतुरी साहित्य आसा; जांव तें कथेंनी; बाय मीना काकोडकर, बाय जयंती नायक, बाय हेमा नायक, बाय नयना अडारकर, बाय माया खरंगटे आनी हेरां वा कवितेंनी; जांव बाय नूतन साखरदांडे, बाय ग्वादुलप डायस, बाय अन्वेशा सिंगबळ. बाय उर्जिता भोबेच्यो थोड्यो कविता ह्या पुस्तकांत आसात त्यो सयत असल्याच प्रकारांत मेळतात; मंगळुरांत सयत आयरीन पिंटो, ग्लेडीस रेगो, क्याथरीन रोड्रिगस, जेयल मंझरपल्के, मोनिका डेसा आनी हेरांच्या कथेंनी. मुंबंयत बाय एवलालिया अलवारीस, शीला कोळंबकर, फिलोमेना सांफ्रान्सिसको, वसुधा प्रभू, रीटा आलबुकर्क हाणीं अस्तुरी साहित्याक देणगी दिल्या.

अंतरनाद पुस्तकांत वाचुंक मेळची पयली कविता 'माळो', ही कविता वाचून गेल्लेपरिंच भुर्ग्यापणाच्या यादिंक उस्तून वेताना सांकेतीक रुपार आमी आमी जियेंवचो काळ कसो यांत्रीक करून आतां ह्या यंत्राचीं गुलाम जावन जियेतांव म्हळें भोव सोभीत रितीन सांग्ता;

'नितळ करूंक घर
हांवें लायली निसण
माळ्यार चडोन वयर
नियाळ्ळी सरबोंवरण
......

अदेसभर माळ्यार हांव

पूण नितळ कांयच केलें ना
गुटलावन दवरिल्लें भुर्गेपण
म्हज्यान हालवंक जालेंना' (माळो)

अस्तुरी संवेदनांच्यो दोन कावितां खडपी काळजाक सयत आपडतात आनी एकेक उतर, त्या काळजांत भगणांचो काट तुटंवचें प्रेतन करतात.

'दोळ्या पोंदची मांवगे
पिंकच्या पोल्या काठा पोंदा
चुर्चुरता घावगे
तरी पदर घड खोवून
हांस्तच रावगे' (अस्तुरी)

बाय नयना अडारकर आनी बाय जयंती नायक हांच्या कविता पुस्तकाच्या विशलेषणांत हांवें बरयिल्लें, एका आवयची वळख उण्या उत्रांनी सांगुंक जाय तर; एका आवयच्या मोगासमोर सगळो दरयोच एक थेंबो. आनी ह्या बरवपा पाटलो शेवोट समजल्ल्यांक ही कविता सलीसायेन समजत.

'सकाळची च्या दनपाराचें जेवण
तें तर सदचेंच तांतूं कसलें गगन
रातचें नवें नवें पन्वार कर्ता
घराच आस्ता हांव, जोब खंय कर्ता?' (घराच आस्ता हांव, जोब खंय कर्ता?'

ह्या पुस्तकांत थोड्यो कविता भुर्ग्यापणाल्यो यादी जिव्यो करतात;

'तो सुशेग खंय गेलो
खिणा खिणांतलो
खंय गेलो तो आयतार
म्हजे भुर्गेपणांतलो' (आयतार भुर्गेपणातलो)

एक विस्तार चिंत्पाची कविता अशी आसा, हांगासर पावस पडताना सयत एक जात, एक धर्म, एक कुळी अशें पळेना. पूण एक प्रश्न; पावस कोणाचो? एक सोभीत कविता.

'तूं म्हणटा पावस कोणाचोच नास्ता
तो म्हजो न्हय जाल्यार
तो वत्कच हांव किद्याक
ताच्या चिंन्नांनी आस्तां?' (पावस कोणाचो)

'देशप्रेम एका दिसाचें' एक मार्मीक कविता, हकीगतेची कविता. एका नीज कवीक मात्र हें दिसुंक साध्य आसा. आमचो देश प्रेम खंय चड दिसून येता? सोशियल मीडियांनी आनी वाटसाप ग्रूपांनी. पूण हकीगतेंत हीं सगळीं पोकळीं, तीन कासांचे मोल नासचीं. जशें वाटेर वेच्या गाडियां पाटल्यान घोंकून धांवतेल्या पेव्यांपरीं. ती गाडी रावली तर ते पेटेय रावतात तर ते कित्याक घोंक्तात? हें प्रश्न असल्या देशप्रेमिंक कर्ची गर्ज आसा. अगोस्त पंद्रा तारीक जांव वीस तारीक जांव कांय चड तफावत दिसून येना.

'पर्तून येतलो पंद्रा अगोस्त
देशप्रेम चंवरतलें
एका दिसाक तिरंग्यांनी

मांड बाजारांतले भर्तले' (देशप्रेम एका दिसाचें)

पूण ह्या कवितेच्यो ह्यो वळी म्हाका सादात हसन मांटोच्या उत्रांची याद हाडून दिता, जेदनां १९४७ इस्वेंत देशाचे कुडके जाताना जाल्ल्या हिंदू–मुसलीम गलाव्यांत जेदनां मीड्यान अशी भात्मी छापली; 'दोन लाख हिंदू आनी एक लाख मुसलीम मेले', पूण कोणेंच अशें बरयलें ना; 'तीन लाख मनीस मेले'. आनी एका कविची जवाभदारी हीच.

'देस राखणेचो सोपूत
घेतलो ताणी एक्मतान
सीमेचेर गेलो तो भार्तीय
न्हय हिंदू न्हय मुसलीम ((देशप्रेम एका दिसाचें)

ह्याच चिंत्पाच्या सावळेंत उभी केल्ली अन्येक कविता 'मदर्स डे', तांतल्यो थोड्यो वळी अश्यो आसात;

'आमगेलो वावर जावन
अनीक च्यार घरां कर्तली
ना जाल्यार पोरांक आपल्या
शाळेंत कशी व्हर्तली?' (मदर्स डे)

बाय उर्जिता वेग–वेगळ्या शेरांनी जियेल्या आनी ह्या देशांत आसच्या प्रमूक तीन वर्गांची खरी वळख आसा. गरीब, मधलो आनी ग्रेस्त. ग्रेस्त चडीत ग्रेस्त जाताना दुबळो चड दुबळो जाता पूण सदांच संघर्श करून मधेंच उर्ता मध्यम वर्गाचो मनीस. 'आमी मदले' कविता ह्या चिंत्पाचेर अपुर्भायेचो प्रकास फांकयता.

'आंब्या रूख', 'रितो घोंटेर', 'आमी शिकिल्लीं', 'एकवेरियम', 'रिकामे बोल्स', 'अपरूप', 'म्हजी जीण कोणाक जाय?', 'नवें धुयेंस', 'निर्जीव' वेग–वेगळ्या चिंत्पाच्यो कविता, कविच्या चिंत्पाच्या दिशेंची वळख करून दिताना कवी अपली प्रमूक जवाभदारी विसर्ना. संसारांत खूप मापान अनीत आसा, अन्याय आसा, शोषण आसा, दूक आसा, पूण एक आमी सदां जाग्रूत करून जोगासाणेन दवरुंक जाय आनी तो जावनासा 'विश्वास', 'आशावाद' देकून ह्याच चिंत्पाची कविता पूण आस 'आमी सोडुना' अखेरीक वाचुंक मेळता;

'भिरांतेचें चादर
चोयवाटेन पाकरलां
भयाण किण्ण सगळो वाठार
हांवें खंय नाकारलां' (पूण आस आमी सोडुना)

बाय उर्जिता तसलें तालेंत कोंकणिंत खूप मापान आसा, पूण जेदनां जात–धर्म, प्रांत्य–बोली, लिपी–दिपिच्या कांत्यांनी अपणाचो फायदोच चिंतेल्या दळदिरां मधें असल्या तालेंतांक सोधचें आनी जगवन दवर्चें काम कर्तलीं जाय. हांगासर कों खंच्या 'काराच्या मेळिचो' तें प्रमूक न्हय. एक कोंकणकार चिंत्पाच्या मनशाची गर्ज आसा, न्हय फकत गोंयकार, मंगळूरकार, मुंबयकार' व हेर 'कार'. आनी ह्या चिंत्पाक अपणांवच्या कविंचें चडीत मापान येणें जांव म्हळ्ळोच म्हजो आशावाद.

## वल्ली क्वाड्रस

संपादक: पयणारी.कोम
प्रकाशक: आशावादी प्रकाशन
१४ नवेंबर २०२१




# म्हज्या मनांतलें.....

जेन्ना जेन्ना सरभोवतण साद घालता, आफोंवक लागता, उलो मारता, जेन्ना भोंवतणचो सैम, मनशां, एकूण सगळोच समाज जागयता, तेन्ना तेन्ना म्हजो हात लेखणेक वता आनी काळजांत खतखतता तें सगळें हांव कागदार ओततां. उमाळे भरून ओतुंक लागतात आनी ते कवितेचें रूप घेतात.

आमच्या जीणेत, आमच्या सरभोंवतणी जायत्यो घडणूको घडत आस्तात. कांय बर्‍यो, कांय वायट, कांय लक्षवेधपी, कांय हालोवन जागोवपी, कांय हांसोवपी, कांय रडोवपी. समाजांत, सैमात, सरभोंवतणी घडपी ह्यो घडणूको काळजांत कसले ना कसले उमाळे जागयतात. केन्ना राग येता, केन्ना किळस येता, केन्ना काकलूत दिस्ता. कांय घडणूको मनाक प ात कांय पटनात. पूण तांचेकडेन दोळे धांपून फाट मात करूंक शकना. हे उमाळे काळजाक अस्वस्थ करतात तेन्ना मनांत येतात तीं सगळीं चिंतनां हांव कागदार देंवयतां.
जीणेच्या ह्या पांवड्यार जेन्ना संसारातल्यो चडशो जापसालदारक्यो उण्यो जाल्यात तेन्ना म्हाका म्हजे मनांत देवन म्हज्या उमाळ्यांच्या पलतडीं पळोवपाची सवड मेळटा. समाजाकडेन पळयतना मनांत कितलेशेच मिश्र अशे अणभव जागे जातात. कांय सकारात्मक, कांय नकारात्मक, कांय उमेद वाडोवपी, कांय उर्बा जागोवपी, कांय निर्शेवणी हाडपी तर कांय आस पालोवपी लेगीत! पूण हांव सदांच उगत्या दोळ्यांनी ताजेर चिंतन करतां. हांतलो दर एक उमाळो एक एक कविता जावन येता. तेन्ना हांव ह्या सगळ्या उमाळ्यांच्या पलतडी वचुन तांच्या खोलायेचो साद घेतां. ताजो गाज , ताजो नाद म्हाका नव्यान आयकुंक येता आनी त्या कवितेक आपशींच एक नवें रूप येता. देखूनच हांवें ह्या झेल्याक नांव दवरतना " अंतर्नाद" अशें नांव येवजिलें.

हो कविता झेलो तुमचे मुखार दवरतना म्हजें मन उमळशीकेन भरून येता. हें म्हजें दुसरें पुस्तक . पयलें "उर्जास्रोत", होय एक कविता झेलो! तें पुस्तक खूब जाणांक आवडलां अशें म्हाका जायत्या जाणानी कळयलें आनी बरोवपाचे मार्गार म्हजीं पावलां उमेदीन फुडें सरलीं. ह्याय पुस्तकाक तुमचो बरो प्रतिसाद मेळटलो अशी आस बाळगितां.

पुस्तकाची प्रस्तावना बरोवपाची विनवणी करतकच बाब वल्ली क्वाद्रूस हाणी भोव आपलेपणान ती मानून घेतली. हाका लागून म्हाका सदांच तांच्या उपकारांत रावपाक आवडटलें. वल्ली बाब क्वाद्रूस हांचे आशावादी प्रकाशनान हें पुस्तक उजवाडाक हाडपाची तयारी दाखयिल्ल्यान म्हजी उमेद आनिकय वाडली. तांका हांव काळजासावन दिनवास्तां.

म्हज्या ह्या बरोवपाच्या वाटचालींत म्हजो घरकार, म्हजीं मांय – मांव आनी आवय बापूय सदांच म्हाका उर्बा दीत आस्तात तशेंच म्हजो हात धरून म्हाका ह्या मळार हाडपी,म्हाका पावला पावलाक साथ दिवन बरोवपाच्या मळार सातत्यान फुडें वचपाक मनाचें बळगें दिवपी बाय सुफला गायतोंडे हांचो आशीर्वाद सदांच म्हजे फाटल्यान आसचो अशें काळजासावन मागतां.

# धिन्वास तुमकां

आशावादी प्रकाशनाच्या डिजिटल मिसांवाक पाटिंबो दिलेल्या तुमकां समेस्तांक काळजामनाचे धिन्वास



- मानेस्त रोनालड कोलासो, दुभाय
- मानेस्त फेलिक्स लोबो, खतार
- मानेस्त मायकल डी'सोज, दुभाय
- मानेस्तीण मोनिका डे'सा मथायस, डबलीन
- मानेस्तीण मागदलेन बारबोज आनी कुटम, शीरवां
- मानेस्त रोनालड मोंतेरो, कटपाडी
- मानेस्तीण लिनेट डी'सोज, मुंबय
- मानेस्त स्टेनरो, अजेकार
- मानेस्त उदय म्हांबरो, गोंय
- मानेस्त कोनी डि'कोस्ता आनि कुटाम, नवी मुंबई
- एक अभिमानी

# १. माळो

नितळ करूंक घर
हांवें लायली निसण
माळ्यार चडून वयर
नियाळ्ळी सरभोंवतण

शाळेच्या स्पर्धेची धाल
वयर बशिल्ली
घंयरांवाची व्हडली झालर
ताजेर  दशिल्ली

एक दप्तर पोरणें
बुराकांचें, ल्हान व्हड
इतिहास, भुगोल भरून
लागतालें तें जड

एक गडगडो कांय घुलो
एक सापशीडये पट
एक संध्येचो पडगो
एक तांब्याचें चिपट

म्हजे आवडीचो पेलो
एक चेपां पडिल्लो
तिचाकी सायकली
सिटार चडिल्लो

एक आज्याचें व्हलतेर
कापड  नाशिल्लें
एक जात्रेंतलें गिरगिरें
ताजे कुशीन बशिल्लें

माणकुली चूल कुकुले तोप
कांय आंशे बुडकुल्यानी
च्याचें गाळणे सानुलें
खेळपाक  रांदचे वाडचेल्यांनी

थंयच दिसली एक बावली
मोडक्या हातांची
पिंगशा केसांची घालून
खोमशी खतांची

कांय रिकाम्यो काशी
सूरसुर्र्य़ाच्यो आनी पावसाच्यो
आनी कांय यादी बांदिल्ल्यो
चवथीच्या दिसांच्यो

आकाशदिव्या पोरणो
सांगाडो मोडिल्लो
पिंजक्या फोलीं सयत
माक्नापोंदा दडिल्लो

एक रेडियो 'फिलिप्स'
ट्रंका मुळांत पडिल्लो
विवीध भारती खळार मळार
आयकूंक हाडिल्लो

कितलीशींच पोरणी लातां
पिंजकीं कागदा फुलां
फेस्ताचे धनुश्य बाण
आनी कितलीं पिस्तुलां

घंयरांवान धुल्लान भरिल्लो
माळ्याचो कणान कण
माळ्यार घुस्पून पडिल्लें
म्हजें अख्खें भुरगेपण

आदेसभर माळ्यार हांव
पूण नितळ कांयच केलें ना
गुठलावन दवरिल्लें भुरगेपण
म्हज्यान हालोवंक जालें ना

# २. अस्तुरी

आड्डून आड्डून सांगता काणी
दोळ्या पोंदची माव गे
पींजक्या पोलक्या काठा पोंदा
चुरचुरता घाव गे
तरी पदर घ ` खोवुन
हांस्तच राव गे

वोताची गे वाट जरी
भाजतात पांय गे
घामा रगतान माखल्यात
कात्र्यांचें घाय गे
घराक राखुंक घ ` उबी
तुंवेंच रावुंक जाय गे

फाटीक जरी तुज्या खीणां
धीरा मलम माख गे
मोडली जरी पेजान तरी
दिंव नाका वांक गे
पदरांत लीपय लज, घाय
अब्रू तुजी राख गे

दोळ्यांत तुज्या सदांच कित्या
आस्ता एक दूक गे
मोडून लेगीत न्हिदुंक दिना
पोटा पाडी भूक गे
तारेवेलो खेळुंच जसो
दुख आनी सुख गे

मार सोसुन सोसुन जाल्या
कणखर तूं जरी गे
हांसत्या तोंडान रान कशें
जीवाचें तूं करी गे
काळखे दरयेंत व्हांवयता तूं
अमृताच्यो झरी गे
अप्रूपाचें जीवें रूप
तूंच ती अस्तुरी गे
अप्रूपाचें जीवें रूप
तूंच ती अस्तुरी गे

# ३. घराच आस्ता हांव, जॉब खंय करतां?

सकाळची च्या दनपारचें जेवण
तें तर सदचेंच तांतुंत कसलें गगन
रातचे नवे नवे पनवार करतां
घराच आस्ता हांव, जॉब खंय करतां?

भुरग्यांचें खाण तांचें जेवण
तांचो अभ्यास तांचें शिक्षण
असायनमेंट, होमवर्क, बेगां तांचीं भरतां
घराच आस्तां हांव, जॉब खंय करतां?

मायमावाची भलायकी तांची जतनाय
पथ्यूय पाळप, यादिन हाडप वखदांय
देवळांनी, दोतोरागेर हाडटां व्हरतां
घराच आस्ता हांव, जॉब खंय करतां?

वॉशींग मशीन लायतां
कपड्यांक फेर्र मारतां
जाग्यावेलें सगळें जाग्यार दवरतां
घराच आस्ता हांव जॉब खंय करतां?

लायटीचीं, फोनाचीं बीलां भरप
बाजार, नुस्तेंय हांवेंच करपभरून
मान्याची, घराची लींपेजूय करतां
घराच आस्ता हांव जॉब खंय करतां?

भुरग्यांचीं दुयेसां तांचीं दुखणीं
तांची झगडीं, रुसणी, फुगणीं
सगळ्यांच्यो गरजो मतीन धरतां
घराच आस्ता हांव जॉब खंय करतां?

बँकेन वचप, पैशे गुंतवप
घरांत नवें सामान घेवप
मोडिल्लें तुटिल्लें सारकें करतां
घराच आस्ता हांव, जॉब खंय करतां?

भुरग्यंचे तर क्लास कितलेशे
केन्नाय दिस्ता तांका भोंवचेंशें
गाडी घेवन फिरूंक व्हरतां
घराच आस्ता हांव, जॉब खंय करतां?

थंडूच जेवण जेवतां
थंडूच उदक न्हातां
फाटीक कोण लागील्लेवरी घाई ओगीच करतां
घराच आस्ता हांव, जॉब खंय करतां?

करीयर हांवें केन्ना सोडून दिलें
घराचें, भुरग्यांचें मन लावन केलें
तांतुंत किदें कोणाचेर उपकार व्हय करतां?
घराच आस्ता हांव जॉब खंय करतां?

सदांच म्हजी नस्ती ताकतीक
वेळ सारको आखूंक शीक
वेळ मेळना म्हण रड किद्याक करता?
घराच आस्ता हांव जॉब खंय करतां?

म्हाका किद्याक सुशेग जाय?
मुदास म्हळ्यार किदें काय?
घरा बसून दिसभर किदें म्हणून करतां?
घराच आस्तां हांव जॉब खंय करतां?

म्हजीं आनी सपनां कसलीं
म्हाका किद्याक न्हिदुंक जाय?
इतल्याशा कामाचें गगन किद्याक करता?
घराच आस्ता हांव जॉब खंय करतां?

केन्नाय दिस्ता म्हाका खंयूय वचूंक जाय
पुस्तक वाचूंक, पंदा आयकूंक शांत बसुंक जाय
सगळीं म्हाका याद करता
अशें पुसून हांव किदें करतां?
घराच आस्तां हांव जॉब खंय करतां?

# ४. आयतार भुरगेपणातलो

ती फांतोड खंय गेली
आवय कुशींतली
खंय गेलो धाक
बापायच्या दोळ्यांतलो

तो सुसेग खंय गेलो
खीणा खीणांतलो
खंय गेलो तो आयतार
म्हजे भुरगेपणांतलो

शेनवारच्यान लागिल्ली
ती आस फाल्यांची
तीश्टून वाट पळोवप
इश्टांच्या उल्यांची

आयतारचो धुडगूस
तीव्यावयलो मोडणांतलो
खंय गेलो तो आयतार
म्हजे भुरगेपणांतलो

खंय गेलें रेडयोवेलें
खळार आनी मळार
टीवीवेली रंगोली
महाभारतातले अवतार

राम रावण खंय गेलो
रामायणातलो
खंय गेलो आयतार
म्हजे भुरगेपणातलो

खंय गेलो डाव
गड्ड्यांचो घुलांचो
खंय गेलो खेळ
कोयणे बालांचो

लंगडेचो, खांब्यांचो
शेणा आंगणांतलो
खंय गेलो आयतार
म्हजे भुरगेपणांतलो

आयतारचो गरमगरम
च्यावेचो चुरको
तांबड्या तांदळा पेजेचो
निवांत तो भुरको

सुवाद खंय गेलो
कुळण्यातल्या हुमणांतलो
खंय गेलो तो आयतार
म्हजे भुरगेपणातलो

पोरसांतली दूर्वा , फुलां
पुंजावपाची सर्त
वेळेवेल्या शिंपल्यांची
आमकां कोण अर्थ

खंय गेलो लीपयल्लो तो
शंख मेजा खणांतलो
खंय गेलो तो आयतार
म्हजे भुरगेपणातलो

भावा भयणीं वांगडा
पासय वेळेवेली
खीणान केलीं झगडीं
खीणान एकठांय जालीं

वेळेवेल्या रेंवेंच्या
कणाकणातलो
सांजवेळच्या सोबीत
भांगरा किर्णांतलो
खंय गेलो तो आयतार
म्हजे भुरगेपणातलो

आयजुय येता आयतार
आयजुय मेळटा फेरयाद
भुरगेपणातल्या आयताराची
वचना पुणून याद

शेणून गेलो सुवाद
कसो खीणा खीणातलो
खंय गेलो तो आयतार
म्हजे भुरगेपणातलो

# ५. पावस कोणाचो

तूं म्हणटा पावस कोणाचोच नास्ता
तो म्हजो न्हीं जाल्यार
तो वतकच हांव किद्याक
ताज्या चिंतनांनी आस्तां?

तू म्हणटा पावस कोणाचोच नास्ता
तो तुजो न्हीं जाल्यार
ताज्या यादिंनी तूं
मुमुरखोच किद्याक हांस्ता?

तूं म्हणटा पावस कोणाचोच नास्ता
त्या मोग्याक केन्ना विचारलां?
तो येना जाल्यार
ताजें काळीज किद्याक लास्ता?

तूं म्हणटा पावस कोणाचोच नास्ता
त्या विरह्याक केन्ना विचारलां?
फांटल्या खिणांची पांवळी
कशी काळजाक दस्ता?

तूं म्हणटा पावस कोणाचोच नास्ता
शेतकाराक केन्ना विचारलां?
शेता मेरेर तो
कोणाची वाट पळयत बस्ता?

तूं म्हणटा पावस कोणाचोच नास्ता
माणकुल्या भुरग्यांक विचारलां?
पोरन्या पुस्तकाच्या पानांचें
व्हडें किद्याक करीन दिस्ता?

तूं म्हणटा पावस कोणाचोच नास्ता
धरतरेक एकदां विचार
पांचवो दुवाळो लागून
तिज्या गर्भांत कोंब
कशो उपरास्ता?

तूं म्हणटा पावस कोणाचोच नास्ता
मळबाक मात्शें विचार
ताजो कंठ दाटून
कुपांचेर कुपां किद्याक घास्ता?

तूं म्हणटा पावस कोणाचोच नास्ता
झाडां पेडांक विचार
नवे कोंबरेक
आस कोणाची आस्ता?

तूं म्हणटा पावस कोणाचोच नास्ता
रानावनांक विचार
रानजीवांचो जीव
कोणा आशेन भुल्लुस्ता?

तूं म्हणटा पावस कोणाचोच नास्ता
पाख्यावेल्या नळ्याक
दारांतल्या खळाक
पोरसांतल्या जायेक
काळजांतल्या मायेक
आंगणांतल्या वेलीक
आशेल्ल्या हुयेलीक
कुळागरांतल्या माडाक
सवण्यांच्या बीराडाक

केन्ना विचारलां? पावस कोणाचो

मोग्याचो विरह्याचो
शेतकाराचो माणकुल्यांचो
वयले निळे मळबाचो
धरतरेच्या गर्बाचो
नवे कोंबरेचो
जाये मोगरेचो
सुकण्या पीलांचो
कुपां किजीलांचो
आळवा पर्णांचो
हरणा बीरणांचो

पावसाक केन्नाय विचार

पावस कोणाकोणाचो
पावस सगळ्या जाणांचो
घडये तुजो म्हजो वेगळो
पूण पावस दर एकल्याचो
पावस दर एकल्याचो

# ६. देशप्रेम एका दिसाचें

परतुन येतलो पंदरा आगश्ट
देशप्रेम चंवरतलें
एका दिसाक तिरंग्यानी
मांड बाजारांतले भरतले

परतुन वाजतलें राश्ट्रगान
देशप्रेम भरतलें काळजांत
तिरंगी बावटे घेवन हातान
देसमोगी भोंवतले ऑर्रान

परतुन भरतले मोबायल
देशभक्तेच्या संदेशानी
परतुन भोवतले देशभक्त
धवेफुल्ल वेशानी

देशभक्तेचें  नाटक हें
एका दिसाक नटटलें
दुसरे दिसा मुखवटे
साप गळून पडटले

स्वतंत्र जावचो देश म्हण
हांस्त ताणी दिले प्राण
देसाक ओंपली  जीण ताणी
विसरून गेले सगळे जाण

देस राखणेचो सोपूत
घेतलो ताणी एकमतान
सीमेचेर गेलो तो भारतीय
न्हय हिंदू न्हय मुसलमान

आज पावन  भारत भूंयेंचेर
तांडव बलात्कार, भ्रश्टाचाराचो
म्हारगाय, गरीबी, जातीयवाद वाडला

कहर चडला गुन्यांवकारांचो

कोयराच्यो राशी पडल्यात
शिक्षण वेवस्था इबाडल्यात
जागरूकतायेन फुडें सरूंया
काय उदरगतीक फाट करूया?

काल जीव ताणी दिल्लो
मेळची म्हण स्वतंत्रताय
प्राणांचो करून त्याग
हो असलो देस उबारूंक काय?
बावटे घेवन मीरोवचे परस
सान्न घेवन वावुरचें
धुळकटिल्लें देसा भाविश्य
मेळुन आमी सावरचें

कोणाक आतां उरल्या याद
हुतात्म्यांच्या त्यागाची
कोणाक आसा खंत
ताणी भोगिल्ल्या भोगांची

एका दिसाक सगळे लायतले
मुखवटो देश भक्ताचो
कोणाक आसा मान खरो
ताणी गळयल्ल्या रगताचो

पंदरा तारखेक चांटे पावला
भगत सिंग आनी गांधी दिस्तले
दुसरे दिसा  देशप्रेम
काळजांत ओग्गी न्हीदतलें

दुसरे दिसा  देशप्रेम
काळजांत ओग्गी न्हीदतलें
कवळ्यो, तिस्त्यो, वादर्यो जावन
खाची कोनशानी पडटलें

# ७. आमी मदले

खोपीनी आमी रावना
बंगलेय आमकां गावना
भाड्याच्या घरांनी दिस्तले
आमी मदले

जेवणाक ना पादिसेर
पनवारूय ना पानाचेर
शीत हुमण खोशयेन जेवतले
आमी मदले

चलत वचपाची ना दैना
व्हड गाडयांचीय ना थुळेणा
बसीनी आमी भोंवतले
आमी मदले

भीकेक आमी लागूना
पैशांचो माजूय ना
खावन जेवन दिस काडटले
आमी मदले

गरीबांची करतात काकूट
गिरेस्तांची सर्रास लूट
आमकां कोण विचारतले?
आमी मदले

मेळत ताका पुळको गरीबांचो
गिरेस्ताक आदार दुडवाचो
आमी तशेच उरतले
आमी मदले

भीकारी दुडू पुंजायता
जमीन लेगीत विकती घेता
कर भरत बस्तले
आमी मदले

गिरेस्ताच्यो सुटयो जगार
पीसा आनी आयफिल टावरार
आमकां म्हारग पडटा बाजार
आमी मदले

गरीबांक कर सवलती
गिरेस्तांच्यो दुडवांचेर करामती
करा वज्यान चिड्डून वतले
आमी मदले

कोणाक घालप गाराणी
आर्दकुटीच आमची काणी
कोणा कानार घालतले?
आमी मदले

ना जगपाची चंगळ ना जेवणाचे हाल
आमची ना कसलीच कमाल
सामान्य जगून सामान्यूच मरतले
आमी मदले

# ८. मदर्स डे

ती आयली सदचेवरीं
सदचेवरींच हांसली
जोते काडून कोनशाक वचून
पोरने लुगट न्हेंसली

सदचेवरींच घेतली सान्न
आयदनाय घांसलीं
जमीन पुसूंक उदक सोडून
मात्सो वोगोत बसली

सदचेवरींच मान्ने तिणे
घासू घासून काडलें
सदांच जशें घडाटालें
आयजुय तेंच घडलें

आमगेलो वावर जावन
आनीक चार घरां करतली
नाजाल्यार पोरांक आपल्या
शाळेंत कशी व्हरतली?

आयजुय ती वयर चडून
घंयरांव पूसुन काडटली
नाजाल्यार बाबूक नवें
दप्तर खंयचें हाडटली?

कोणा घरांत दोब्राद काम
मर मर मरतली
नाजाल्यार भुरग्यांक शिकोवन
व्हड कशी करतली?

आयजुय ती सदचेवरीं
भुरग्यांक लागून झरतली
चार पैशे चड मेळ्ळयार
भोवंडांवक तांका व्हरतली

आयज घडये करीत ती
सदचेपरस वावर मायज
तिका कोणे सांगलां तर
मदर्स डे म्हणून आयज?
तिका कोणे सांगलां तर
मदर्स डे म्हणून आयज?

# ९. आंब्या रूख

वयल्या मार्गार रस्त्या कडेक
तेन्नाय तो थंयच आसलो
कितले खेपो खांदार ताज्या
खेळुंक हांव चडुन बसलों

आंबे चोरून खावपाचें
तें वेगळेंच सुख
भुरगेपणांतलो इश्टूच
तो आंब्या रूख

कवना जेन्ना आमचीं
सोसूं नजो जालीं
फांदी मोडुन ताणे
ख्यास्त आमकां केली

पडुन धडपडुन ताजेर
तशेच आमी वाडले
मस्तेपण आमचें ताणे
अशेंच हांसुन काडलें

लग्न जालें जेन्ना
तोरण बांदलें दारांत
ताळे ताजेच हाडले
कार्याक आमी घरांत

तीसरे म्हयन्यार लागलो
हीका दुवाळो कसलो
तोराची रूच भागोंवक
ताज्याच फांदयेर बसलों

कितलीं तोरां हाडलीं
तीजेखातीर फातरावन
दारा खाचीनी फोडुन
मीठ मीरसांग लावन

अपूरबायेन दिलीं तोरां
दुवाळो खर देखून
फातराय्ल्ली जखम लेगीत
गेली ताजी पेकून

बाबू म्हजो व्हड जावन
तोरां खातलो तसोच चोरून
म्हजेवरींच खेळटलो तो
आंब्या रूखाक गोळोव  मारून

आंब्या रूखार चडपाची
आतां कोणाक ना आवड
रूखा सावळेन लोळपाक
कोणाक आतां आसा सवड?

आता बाबू व्हड जालो
बूकां शिकूंक शारांत गेलो
फांदयो ताज्यो आपयता रे
वार्या तालार मारून उलो

जाणटे जाल्यात आतां दोळे
मोती पडून धूकें जालां
वयल्या मार्गार दर दीसा
तरी बस्ता रूखा मूळा

पयर ते पळोवन गेल्यात
रस्तो खंय अशीर जाता
हेरादारी वाडल्या देखून
आंब्यारूख  मदीं   येता

आतां म्हज्यांत तांक ना
काळजाच्यान तें सोंसचेना
वयल्या मार्गार वचचोना
घाय ते काळजार घेवचोना
घाय ते काळजार घेवचोना

# १०. आदर्श पूत

तुजे पयले पावलाची तिका भोव लक्तुबाय
तुजे गोड हांशाची तिका कोण अपूरबाय

कितलो तुका राखलो तिणे पावला कणकणी
आल्लय तिजी कितली सोबीत मनभुलयणी

मात्सो व्हड जातांच इश्कॉलांत तुका घालो
कुयदादीन हाताक धरून सद्दां तुका व्हेलो

तुज्यो सगळ्यो गरजो तिणे हांस्तच भागयल्यो
तुका बरी न्हीद दिंवक कितल्यो राती जागयल्यो

तूंवेंय बरो शिकुन तिजे कश्टाचें चीज केलें
व्हडविकेन तुज्या तिजें हड्डें फुलून गेलें

संस्काराची शिकवण तिणे उणी पडुंक दिली ना
पूण जगा मुखार केन्नाच तुजी चूक येंवक दिली ना

जगाक तिणे दाखयलेंना तुजें कसलेंच कूत
जगामुखार दवरलो तिणे हो आदर्श पूत

व्हडा उमेदीन तिणे लग्न तुजें लावन दिलें
रीति भाति राखून सगळें मान पान केलें

कितल्यो राखून दवरल्यो तिणे सगळ्यो यादी
झबलीं, पोळेर, खिळखिळे, सांवरीं कापसा गादी

आता ती भागून गेल्या कुडीचो जाला व्हीर
ओश्पितालांत तिका तुजोच पूता धीर

आतां तिका घरा हाडप संसाराक तुज्या आडखळ
आश्रमांत तिका धाडपाची चल्ल्या तुजी धडपड

खिळखिळित कुडीन आतां प्राण तिजो घुसम ा
आनंतान विलीन जांवक जीण आता धडपडटा

आश्रमांत व्हेली जाल्यार लज तुजी वतली
आदर्श पूताची मागीर देख कशी दितली?

सगळें येवजून घरा वचपा विचार तिणे खोडलो
आश्रमात व्हरचे आदींच प्राण तिणे सोडलो

कोणाक पत्तो लागलो ना प्राण तिजो सरलो
तूं मात जगामुखार आदर्श पूत उरलो

# ११. रीतो घोंटेर

घर अख्खें आमकांच आतां
भुरगीं सगळीं जालीं व्हड
कुडीन कुड जाल्या रिती
यादीच उरल्यात चड

यात एकदा, पळोवन वचात
घर तेंच पोरने
न्हावपाक पुणून आमकां
आतां वेगळें वेगळें मान्ने

मेळटा आतां खूप सवड
न्हिदुंक लेगीत वेगळी खाट
न्हीद पुणून पडटा खंय?
खाटीक फकत तेंकता फाट

आता खूप जागो जाला
मेळत थंय मेकळो लुगार
कुडीय आसात रित्यो आनी
रीती रीतीच  आरमार

सगळें सामान जागचे जाग्यार
किदेंच ना अस्ताव्यस्थ
पुणून आतां सोसुं नजो
इतली कडक ही  शिस्त

सगळें सोपत आयलां कशें
पड्डो पडला खरें म्हळ्यार
यादी पुणून बांदुन आसात
सुगूर त्या वयल्या माळ्यार

# १२. आमी शिकिल्लीं

चलो जांव चली
आमगेर एक समान
तेच नेमान तेच प्रेमान पोशिल्लीं
आमी शिकिल्लीं

दोगांयकय सारकींच लेखतात
गूण तांचे सारकेच देखतात
कसलोच भेद भाव नाशिल्लीं
आमी शिकिल्लीं

एकाच शाळेंत शिकयतात
एकाच बांकार बसयतात
दिनचर्या समान आखिल्ली
आमी शिकिल्लीं

पूण......

पूण चली आस्ता नाजूक
आपूरबायेची जशी बावली
परक्या दादल्या सावळी नाका आशिल्ली
आमी शिकिल्लीं

चलयांक बरी शिकवण दिवची
तांचेर घालचो संस्कारांचो शींवर
चल्यांक ताजी गरज नाशिल्ली
आमी शिकिल्लीं

पांय वयर करून बसचें न्हीं
आवाज केन्नाच वाडचो न्हीं
चली आसची, तोंडार हात धरून हांशिल्ली
आमी शिकिल्लीं

चलयेन सातांक घरा येवप
काळखांत सदां घराच रावप
चली आसची, राती हेड नाशिल्ली
आमी शिकिल्लीं

मोटवी साय, खोल गळो
"बर्‍या" चलयांची न्हीं लक्षणां
चली जाय, हड्ड्यार गच्च पदर आशिल्ली
आमी शिकिल्लीं

चरित्र तांजें आसा न्हेसणांत
शिळोणी घालपी चले आसूं
तीच शिंदळ, तीच लज नाशिल्ली
आमी शिकिल्लीं

आंकवारपण तीजे चरित्राचो मान
लग्नाकडें दिवचें पडटा प्रमाण
तें शेणल्यार, ती नीत नाशिल्ली
आमी शिकिल्लीं

दोगांय जरी वतात कामार
तीजेरच आसचो घराचो भार
रांदुंक, वाडुंक जाणा आशिल्लीं
आमी शिकिल्लीं

एकाच नोकरेर चलो आनी चली
"समानताय" स्पश्ट  समाजांतली
ताजो पगार इल्लो चड आशिल्ली
आमी शिकिल्लीं

वागणुकेक ह्या इल्लोय ना सुमार
समानताये नावार अत्याचार
चलत आयला अपरंपार
आतां घडयतलीं जीण
आमकां जाय आशिल्ली
आमी शिकिल्लीं

# १३. भीरांत

तीणे म्हळें, " म्हाका भीरांत दिस्ता."

काळखे रातीची? अघटीताची?

ना.
त्या विकृत नदरांची.
भीरांत, त्या नदरां फांटल्या विकृत  आखणेची, विकृत चिंतनांच्या विकृत मनाची!
युगांचीं युगां चलत आयिल्ली ही
भीरांत......
पूण तिणे किदें चूक केल्या?
तिका खंय आयल्यांत विकृत चिंतना.
तिका कसली भीरांत आनी किद्याक?

ते अनाकलनीय ख्यास्तीची?
जी एक रात दिता?
रात खंयची?
झगझगीत दिस लेगीत!
कांय खीण दितात ती ख्यास्त
अख्खे आयुश्याखातीर
ताजे विकृत कूडीचे विकृत भूकेक लागून विकृत काळजाचे विकृत चिंतनांक लागून.
तिका भोगची पडटा ही ख्यास्त!
आनी आतां तर तीजें आयुश्यच सोपयलें.
सदांकाळाक!
आनी "ताजी" भीरांत सगळ्याक फाकावली.
दर एका "तिका" रातचें एकटें भोंवतना पळोवन. दर एका प्रियांकाच्या काळजांत जल्मली सासणाची भीरांत!

चड जालें! आतां चड जालें!
हे भीरांतेन दीशा बदलुंक जाय!
आपले योग्य जाग्यार पावपाक जाय. भीरांतेन जागो घेंवक जाय ते विकृत कूडीचे, विकृत चिंतनांचे, विकृत काळजांत!

आतां अशी ख्यास्त जावपाक जाय

त्या कूडींक, त्या नदरांक, त्या आखण्यांक आनी त्या चिंतनांक.
समेस्तांमुखार!
दर खेपे अशीं चिंतना मनांत येवचे पयलीं
आत्मो थरथरपाक जाय "ताजो"
आतां अशी ख्यास्त जावपाक जाय!
कापून उडयात तांची विकृत कूड
उजो लायात तांचे विकृत आंगांक
लासून उडयात हे विकृतेक सदांकाळाक!
समाजाक, संसाराक
पळोंव दी!
दर खेपे ही विकृत चिंतना येवचे पयलीं "ताजे" काळजांत खोल मेरेन बासूं दी
एक थरथराट!
एक भयंकर
भीरांत!

# १४. एक्वेरियम

सकाळीं उठत साकून
काल रातीं सपनात पळयल्लो एक्वेरियम
दोळ्यामुखार नाचतालो
सकाळच्यान जसो
फाटीक लागिल्लो
दुद तापयतना
च्याक आदन दवरतना
झाडांक उदक घालतना
पेपर भीतर घेतना......
तो नाचतालो दोळ्यामुखार

किद्याक? कळ्ळें ना.

मागीर म्हाका दिसलें
तो म्हाका कसली
याद करून दिता...

वण्टींची....
हांवें बांदिल्ले वण्टीँची
काचेंच्या वण्टींची याद

हांवें म्हजे भोवतणी
कांचेच्यो वण्टी बांदल्यात
तांतल्यान म्हाका लोक दिस्तात
तांकाय हांव दिस्तां
पूण.......

पूण म्हजो आवाज
तांचेमेरेन पावना.
म्हाका उलोवचें आस्ता,
तोंड उगडल्यार उतर फुटना,
उतर फुटल्यार
आवाज भायर सरना,
आनी भायर सरता तो आवाज
काचेच्या वण्टींक आदळुन

परतुन येता.........
म्हण हालीसराक
हांव ओगीच आस्तां.

काळजांत उतरां खतखतत वतात
चिंतनांक उकळी येता
ओतो लेगीत येता
पूण.....
काचेक आदळपाचे भयान
तीं भीतरच तुंबतात
आनी हांव
पेंवतां ते कांचेच्या वण्टींनी
एक्वेरियमान पेंवपी नुस्त्यावरीं.
सदांच रीतें करून लेगीत
तें भरत वता.
खारे उदकान
दर्यावरी खारे
म्हजेच दुकांनी
पूण आतां......
आतां थारायलां.
केन्नातरी एक दीस
ही वणत फोडटलें.
कंवच्यो कंवच्यो जातल्यो
चकचकीत कंवच्यो
उजवाडांत लखलखपी.
आनी.....
ह्या कंवच्यांतल्यान
म्हजे काळजांतलीं उतरां
तुंबिल्ली चिंतना
आड्डून आड्डून सांगतलें.
आनी ताजो गाज पावतलो
दिगंतरा..........

# १५. रीकामे बोल्स

कितल्यांच्या तोंडावेलें
मयें देवयलें
रीकाम्या म्हाज्या बोल्सान
म्हाका खूप शिकयलें

दुडू आसले तेन्ना
अख्खो संसार भोवलों
जगांतले कितले
खांची कोनशे पळयले
जग म्हळ्यार किदें
सोदत उरलों हांव
रीत्या हातान म्हाका
खरें जग दाखयलें
रीकाम्या म्हज्या बोल्सान
म्हाका खूप शिकयलें

बल्कांवार भरताली
इश्टांची सभा
खंयच्याय वेळार मेळपाक
म्हाकाय आसली मुभा
तोखणायेचे तुस्तीचे
झरेच व्हांवताले
इश्टागतीचे बावटे
धोलत रावताले
खीसो ल्होव जाताच
भायलें दार दाखयलें
रिकाम्या म्हज्या बोल्सान
म्हाका खूप शिकयलें

येवप वचप आस्तालें
आपले लोकांचें
माथ्यार म्हजे चादर कशें
माये मोगाचें
आतऱ्या पयऱ्यान जमतालें
सोयऱ्यांचें भिरें
पादिसेरीन माये लुगट
केलें झिरझिरें
दुडवा तागडेंत माप म्हजें
सकयल वाकयलें
रिकाम्या म्हज्या बोल्सान
म्हाका खूप शिकयलें

पुस्तकानी सोदले हांवें
जिवीताचें स्त
जाणव्यांचेँ, पारख्यांचें
घेतलें हांवें मत
चाळून चाळून कितले
हांवें ग्रंथ पळयले
घाम गळयलो
आनी रगत जळयलें
अणभवानींच स्ताचें
रूप दाखयलें
रिकाम्या म्हज्या बोल्सान
म्हाका खूप शिकयलें

कितल्यांच्या तोंडावेलें
मयें देवयलें
रीकाम्या म्हाज्या बोल्सान
म्हाका खूप शिकयलें

# १६. अपरूप

ह्या संसारात अपरूप खंय आस्ता?
चिंतुंक गेल्यार अजाप दिस्ता
पूण विज्ञानाच्या पानांनी खेळटलें
एक अटळ सत तुका मेळटलें

अखंड ह्या ब्रम्हांडाचो
कणान कण अमर आस्ता
असंख्य संवत्सरां कितली युगां
हांगाचें सगळें उरता हांगा

एका काळावेले जीव जीवाणू
तुज्यांत आसुं येता तांचे अणू रेणू
आयज तुजे आंगार  जी आसा कात
अंश ताजो आसुं येता पैस अंतराळांत

एका तेंपार उडटालो जो
गर्वान मनीस जावन
आयज ताजो अंश आसत
खंय तरी धुल्लान

आयज जें दिस्ता आसत
घडये तुका विद्रूप
फाटल्या युगांत आसत
तीच सोबीतकाय अपरूप

ब्रम्हांडातलें नकेत्र जें
सहस्र युगां फाटीं
रस्त्या कोनशाक आयज तेंच
घडये धुल्ल चाटी

केन्ना केन्ना असोच विचार
मनात चमकुन वता
हजार वर्सां फाटलो अणू
काळजांत म्हजे आसूं येता

सहस्रावधी युगां पयलीं
जाल्लो आसत उल्कापात
अंश ताजो आयला आसत
कोंब जावन भुंयें गर्भांत

घडये केन्नाय किल्लून येत
घेवन दिव्य तो उजवाड
चंवरून येत धरतरेचेर
जावन उजवाडाचें झाड

ब्रम्हांडांतलो परमाणू एक
म्हजेय कुडीचो भाग आसत
दर्या ल्हार खेळटा आसत
वार्‍या तालार म्हजेच पासत

वारें, उजो, उदक
मळब आनी धरतरी
एकमेकांत भरसत आसात
एकजीव जाल्लेवरीं

धरतरेवेल्या दर एक जीवांत
तारे गीरे जाल्यात एकजीव
उर्जेन फकत रूप बदललां
निर्जीव जांव सजीव

ब्रम्हांड आसा अखंड
दर एक जीव खाशेलो
ना कोण हीन ना कोण श्रेश्ठ
एक अप्रूप दर एकलो

उणे लेखीत कोणुय तुका
फकत पळोवन रूप
विसरू नाका तूं आसा
ब्रम्हांडाचें अपरूप

# १७. म्हजी जीण कोणाक जाय?

म्हजे सारकिल्यांचीं हांगा
घरां आस्तात खंय?
गांव सोडुन भोंवतां हांव
काम मेळत थंय
दोळ्यांत घेवन सपन
बरे दिस येत काय
एका दिसाक लेगीत
म्हजी जीण कोणाक जाय?

रस्ते बांदतां कडक वतान
घरां उबीं करतां चिरे उबारून
बायल भुरगीं लेगीत म्हजीं
वतलीं काय अशींच झुरून
आनी कितल्यो पीळग्यो
हांवें असोच झरूंक जाय
एकाच दिसाक लेगीत
म्हजी जीण कोणाक जाय

आयज हे शारांत फाल्यां थंय
कामां व्यापाक कसलीच ना वंय
माथ्यार ना पाखे ना तेकुंक वणत
घाम गळुन गेलां आटुन रगत
कोणाक म्हणून दाखोंव वचुन
काळजावेले घाय
एकाच दिसाक लेगीत
म्हजी जीण कोणाक जाय

योजण्यो हांगा अशे तरेन केल्यात
जगूं पूण हांव संकटानी उरूं
उदरगती नावाखाल आधोगती जाल्या
जाप  हाजी रे कोणाक विचारूं
खंयचेकडें मागुंक वचुं
म्हजे खातीर न्याय
एकाच दिसाक लेगीत
म्हजी जीण कोणाक जाय

शिक्षीणाची म्हाका कसली गरज
ताजेर तुमचीच मक्तेदारी
मजूर हांव मजूरच उरचों
हातुंतच तुमची हुशारी
पीळग्यान पीळगी चलत आयल्या
तुमची हुकूमशाय
एकाच दिसाक लेगीत
म्हजी जीण कोणाक जाय

शिकुन हांव सरल्यार वयर
कोण तुमचो काडटलो कोयर
वजीं उबारुंक येतलो कोण
कोण मारतलो रस्त्यार फोंड
नास्तना हांव जाणवली जरी
तुमकां म्हजी उणाय
एकाच दिसाक लेगीत
म्हजी जीण कोणाक जाय

फोल्गी आपल्या घरानी बसुन

म्हजेर सगळो ओग काडात
पांय धरून म्हजो चडात
म्हाका मात सकयल ओडात
वचत थंय करत रावात
म्हजी बकत्शाय
एकाच दिसाक लेगीत
म्हजी जीण कोणाक जाय

खटाटोप  तुमचो सगळो
पीळग्यो म्हज्यो अशोच उरूं
मजूर म्हणून झरून वचुं
मजूर म्हणच मरूं
घडोंवक म्हाका दिवं नाका
म्हजी अस्मिताय
एकाच दिसाक लेगीत
म्हजी जीण कोणाक जाय

शारांक तुमच्या हांव
आतां जड जालां
गांवांत वचुन मरतां
हांवें थारायलां
मरणाक लेगीत म्हजे
घाल्या तुमी मनाय
एकाच दिसाक लेगीत
म्हजी जीण कोणाक जाय

जीवो दवरुंक धडपड तुमची
जीण सुधारुंक दिंव नाकात
जीवाक विटुन गेल्यार हांव
मरुंक लेगीत दिवं नाकात
जगपा नावार दीत रावात
जिवीत मरणप्राय
एकाच दिसाक लेगीत
म्हजी जीण कोणाक जाय

# १८. नवें दुयेंस

कितलीं मडीं आडवीं पडल्यांत
अख्खें जगूच अशांत विभ्रांत
म्हजी नदर धुंवरेल्या
म्हाका फकत दिस्ता भीरांत

पोरां बाळांक हांडीर मारून
तीं शार सोडून  वतात गावांत
दिसना त्या पोरांची नागडी कूड
करपतना  रखरखीत वतांत

अर्दकुटी वणत उरल्या
तशीच म्हज्या मागीलदारांत
म्हजी नदर धुंवरेल्या
म्हाका फकत दिस्ता भीरांत

लोक घरांत किद्याक रावनात
पासयेर किद्याक न्हिदतात
हांगा थंय भोवुन भोवुन
खावपाक किद्याक सोदतात

जेंवक खांवक मेळना जाल्यार
दारां फोडून घुसत घरांत
म्हजी नदर धुंवरेल्या
म्हाका फकत दिस्ता भीरांत

शेजरा कोणय दुयेंत पडल्यार
काळजांत म्हज्या धडधडटा
संकट म्हजेर येना मूं
हांव तेंच येवजुंक पडटां

म्हाका म्हजेंच पडलां आतां
शेजरा कितलोय येंव आकांत
म्हजी नदर धुंवरेल्या
म्हाका फकत दिस्ता भीरांत

दया माया करूणा मोग
उमाळे सगळे सुन्न जाल्यात
आपले फुडें कोणच दिसना
शीरो सगळ्यो मुंयेल्यात

संकट हें जेन्नाच्यान आयलां
नवें दुयेंस जल्मलां काळजांत
भीरांतीचें दुयेंस आतांच जालां
काय सदांच आसलें म्हज्या मनांत?

संसारार केदोय येंव सांवार
दोळे, काळजां, दारां धापात
स्वार्थान नदर  धुंवरेता
म्हाका सदांच दिस्ता भीरांत
म्हजी नदर धुंवरेता
म्हाका फकत दिस्ता भीरांत

# १९. निर्जीव

ताका दोळे नास्तात
बरो कोण वायट कोण पारखुपाक
आपलो परकी वळखुपाक
म्हणूनच काय आमी ताका निर्जीव म्हणटात?

मळबाचें, झाडांपेडांचें , दोंगरांचें रूप घेता.
पूण मनशा प्रमाण बदलपाक ताका रंग नास्ता.
म्हण जायत घडये

हातय नास्तात ताका
जाय तें स्वीकारपाक
नाका तें न्हयकारपाक
म्हणून काय?

तुज्या पोशांत पावलें
तुजें जावन रावलें
आडायना जाल्यार
निखळ निरंतर व्हांवलें

तें जात पात नकळो
तें नेणा म्हजें तुजें
तें जाणा फकत
व्हांवपाक

ताका लागना दीस आनी रात
तें पळयना दीक आनी वाट
तें व्हांवता
खंय पावपाची नास्तना सासणाय
म्हणून काय?

तें व्हांवता, व्हांवतच आस्ता
हाका लागून ताका लागून
म्हाका लागून तुका लागून
तें सगळ्यांचें जीवन जाता
तें सगळ्यांक जीवन दिता
पूण स्वताः मात जगना
म्हणूनच घडये
ताजें नांव जीवन आसून लेगीत
ताका आमी म्हणटात निर्जीव.

# २०. .....पूण आस आमी सोडुना

हय खरेंच! भीरांतेचें चादर
चोयवाटेन फाकारलां
भयाण किण्ण सगळो वाठार
हांवें खंय नाकारलां

हांतल्यान भायर सरतलींच
जाय धीर आनी करूणा
इतले दीस भायर सरूना
पूण आस आमी सोडुना

भंय आसलो तरी
धीर सोडचो न्हीं
एकटो आसलो तरी
एकसुरो जावचो न्हीं

कुडींत अंतर दवरलां
काळजान वांगड सोडुना
इतले दीस भायर सरूना
पूण आस आमी सोडुना

आशेचीं जनेलां उगतीं जाल्यंत
किरणां धीराची घरांत रीगल्यांत
आशेरच तर चलता संसार
विश्वासान मना रंगल्यांत

भीरांत जरी अनिश्चिताची
विश्वास आमचो गळना
इतले दीस भायर सरूना
पूण आस आमी सोडुना

रोकडेंच रूप परततलें
रस्ते मनशानी भरतले
वेळेर भुरगीं खेळटली
लोक हातांत हात धरतले

चैतन्य जालां जागें आतां
उर्बेची शक्त हरूना
इतले दीस भायर सरूना
पूण आस आमी सोडुना

देशाचें रूप बदलतलें
घरांत सुख  परततलें
कितलें किदें भोगलां आमी
हेंय आमी निस्तरतले

मेळुन लडाय जिखतले
हांतुंत कसलोच दुबाव ना
इतले दीस भायर सरूना
पूण आस आमी सोडुना
आस आमी सोडुना




## उर्जिता भोबे

साहितीक अभिरूच आस्ची गोंयची उर्भेवंत कवयत्री ही. कविसम्मेळनांनी ती काऱ्याळ. हेर भासेंतलीं कविता सयत वासची अभिरूच आसच्या हिचो फुडलद कवितजमो **'उर्जास्रोत'** पर्गट जाला. कोंकणी कवितेंनी नवी सकत भर्चे दिशेन बाय उर्जिता वावर करून आसा. पयणारी–वीज साहितीक स्पर्धो २०१८ चेर हिच्या कवितेक दुस्रें इनाम, पयणारी–वीज साहितीक स्पर्धो २०१९ चेर पयलें इनाम लाभलां.

बाय उर्जिता एक संवेदनशीळ कवी, आयचो काळ डिजिटल काळ, सोशियल मीडियाचो काळ. कोणालागिंय वेळ ना, देकून सगळें वेगीं जाय, आनी मटवें आसुंक जाय; जांव ती कविता, वा कथा.

आज कोंकणिंत वाचप्याकी चड मापान कवी भरल्यात. पूण स्व–घोशीत कवी जाल्ल्या चडतावां थंय 'कवी'च ना. कवी म्हळ्यार बरयतलो मात्र? हें प्रश्न 'हांव कवी' म्हण चिंतेल्या, पात्येतेल्यांनी अपणाक कर्चें. पूण ताच्यादीं पयलें अपणाथंय 'अंतरमन' म्हळ्ळें आसाकाय म्हळ्ळें प्रश्न पयलें कर्चें.

**– वल्ली क्वाड्रस**

संपादक – पय्णारी.कोम